# Akashwani Panaji Regional news 9 March 2025

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मंगळारा सावन मॉरिशसांत दोन दिसांच्या भेटीर आस्तले. प्रधानमंत्री मोदी मॉरिशसाच्या राश्ट्रीय दिसाचा उत्सवक मुखेल सोयरो म्हूण हजिर आस्तले . प्रधानमंत्री मंगळारा सकाळीं  पोर्ट लुईसांत पावपाचे आसात.ते सर सीवूसागुर रामगूलम वनस्पति उद्यानाक भेट दिवन मॉरिशसाचे आदले प्रधानमंत्री आनी संस्थापक  सीवूसागुर रामगूलम तशेंच मॉरिशसाचो आदले अध्यक्ष आनी प्रधानमंत्री सर अनूद जुगनौथ हांकां आर्गा ओप्तले .हे भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी मॉरिशसाचे अध्यक्ष धरमबीर गोखूलान्चि भेट घेत्ले, प्रधानमंत्री नवीनचंद्र रामगूलम हांचे कडेन चर्चा करतले आनी वरिश्ठ मानेस्त आनी राजकी फुडाऱ्यांक मेळटले. तशेंच प्रधन्मंत्रि मोदी भारतीय मूळ समाजाच्या वांगड्या कडेन संपर्क सादतले आनी भारताच्या अनुदानाच्या आदारान बांदिल्ले दोन मुखेल प्रकल्प नागरिक सेवा महाविद्यालय आनी एरिया हेल्थ सेंटरचे उक्तावण करतले. . ते भायर द्विपक्षीय सहकार्याक आनीक घटमूट करपा खातीर भेटी वेळार जायत्या समन्वय पत्रांची  अदलाबदल जातली.

---

जागतिक महिला दिनाच्या निमित्त आयज दिवचल म्हालांत तरेकवार कार्यावळी जाल्यो. साखळी रवींद्र भवन आणि पद्मिनी फाउंडेशन हांच्या जोड पालवान साखळीच्या रवींद्र भवनात स्वयंपूर्णा ही बायलांखातीर खाशेली कार्यावळ जाली. हे कार्यावळीक मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत, पद्मिनी फाउंडेशनचे अध्यक्ष सुलक्षणा सावंत रवींद्र भवनचे उपाध्यक्ष श्री दत्ताराम चिमुलकर आनि हेअर मानेस्त हजर आसले. दिवचल मतदार संघात दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हाणीं मतदारसंघातल्या महिलांखतीर खेळासर्तीचें आयोजन केले. दिवचलच्या श्री छत्रपती शिवाजी महाराज खेळा मळाचेर खेळावीजन ही बायलांखातीर खास क्रीडा विषयक कार्यावळ जाली. त्याच प्रमाण दिवचल म्हालात साखळी, मये ,दिवचल, मुळगाव ,आनी हेर सुवातींनी जागतिक महिला दिनाच्या निमित्तान तरेकवार कार्यावळीचें आयोजन जालें .

---

राज्यांत राष्ट्रीय शिक्षण धोरण लागू जायत सावन वेगवेगळ्या प्रशिक्षण कार्यावळींक सुरवात जाल्या. त्याच माळेंत मुळावो पावंडो ते माध्यमिक पांवडयामेरेन शिक्षक आनी मुख्याध्यापकांची एक म्हत्वाची प्रशिक्षण कार्यावळ १० ते १३ मार्च मजगती पर्वरी एस सी ई आर टी सभाघरान जातली अशी म्हायती मेघना शेटगांवकर हांणी जारी केल्या परिपत्रकावरवी दिल्या. एन .सी .ई .आर .टी . नवी दिल्ली हांच्या पालवान सुरु जावपी ह्या प्रशिक्षण कार्यावळींत राज्यातल्या माध्यमिक शाळांचे मुख्याध्यापक , उच्च माध्यमिक शाळांचे प्राचार्य तशेंच समग्र शिक्षा अभियान अधिकारी आणि ए .डी .ई .आय . वाटेकार जातले . शिक्षण आनी तिगून उरपी उदरगत तशेंच शालेय अभ्यासक्रमांत संवसारीक नागरीकताय शिक्षण अश्या दोन विषयांचेर ह्या कार्यशाळेत मार्गदर्शन जातले. राज्यातले ३० प्राचार्य आनी शिक्षण अधिकारी हांतूत सहभागी जातले.

---

गोंय कर्मचारी आयोगा वरवीं ज्युनियर स्टेनोग्राफराच्या 53 पदां खातीर 23 मार्च आयताराक परिक्षा जातली. हे परिक्षे खातीर 774 उमेदवारांची नोंदणी जाल्या. एलडीसी पदां खातीरची सीबीटी - 3 परिक्षा लेगीत 23 मार्चाकूच जातली. गोंय कर्मचारी भरती आयोगान एलडीसीची 232 आनी ज्युनियर स्टेनोग्राफराची 53 पदां भरपा खातीरची जायरात नोव्हेंबर 2024 त दिल्ली. एलडीसी पदां खातीर हजारांनी अर्ज आयलें. हाका लागून सीबीटी - 2 परिक्षा पांच दिसांनी जाली. जानेवारींत सीबीटी - 2 परिक्षा जाली. आतां आयोगान ज्युनियर स्टेनोग्राफर पदा खातीर परिक्षेची प्रक्रिया सुरू केल्या.

---

'बेटी बचाओ बेटी पढ़ाओ' ही फकत घोशणा न्हय, तर बायलां सशक्तीकरणाच्या मळार खरेपणान जाल्ली ही क्रांती अशें मत समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी अयज मांडले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मादी हांणी धा वर्सां आदीं हे मिशन सुरु केले उपरांत देशभरांतल्या बायलांचीं कर्तृत्वांक खऱ्या अर्थान वाव मेळ्ळो आनी दर एका मळार बायलां मुखार येवंक लागलीं अशें मत तांणी मांडलें.'बेटी बचाओ बेटी पढ़ाओ' हे मोहिमेक अंदू धा वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी कार्यालयान आयज आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान दशकपूर्ती कार्यावळ घडोवन हाडिल्ली. ह्या वेळार कर्तृत्वी बायला,

बायल पुलीस अधिकारी, बायलां स्वयंसेवी गट आनी हुशार विद्यार्थिनींचो भौमान केलो.